# Panaji regional news 19 .09.2025, 7.20

## उदका प्रदुशण

राज्यांत भूंयगत उदकाची पातळी उणी जायत आसा. भूंयगत उदकूय दूशीत जावपाक लागलां. उदका प्रदुशण आडावपा खातीर राज्य सरकारान केल्ल्या यत्नांत सगळयांचे सहकार्य गरजेचें आसा अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. शुक्रारा पणजेंत वेगवेगळया खात्यां वतीनी आयोजीत केल्ल्या सरोवर पुनः निर्माण कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार डॉ. शरद काळे, पर्यावरण संचालक सचिन देसाय, प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे अध्यक्ष लेव्हीसन मार्टिन, डॉ. गीता नागवेकार आनी उदका स्त्रोत खात्याचे मुखेल अभियंते ज्ञानेश्वर सालेलकार हाजीर आशिल्ले.गोंयची सोबीतकाय फकत दर्यादिगांनीच ना. ते रानां, झरे, तळीं आनी पर्यावरणांतूय आसा. उदकाचें प्रदुशण जावचें न्हय हे खातीर आतां सावन ल्हान भुरग्यां मदीं जागृताय निर्माण करपाक जाय. प्लास्टीक आतां नुस्त्यांच्या पोटांत मेळटा. पर्यायान ते आमच्या कुडींतय भितर सरता. प्लास्टीक विरगळपा खातीर एक हजार वर्सां परस चड काळ लागता. ताचे परिणाम आमकां तशेंच फुडले पिळगेक सोंसचे पडटले अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.उदका स्त्रोत खात्यान राज्यांतल्या सगल्या तालुक्यांतल्या पाणथळ वाठारांचो ॲटलास तयार केला. अशें करपी गोंय हें देशांतलें पयलें राज्य आसा, अशे ताणी सांगले.

## सेवा पखवाडा

सेवा पखवाडा सप्तकाच्या फांटभुयेंर गोंय म्हायती आमी प्रसार संचालनालयान आयज रोजगार मेळाव्याचे पणजे कला अकादमीत आयोजन केल्ले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी पर्यावरण, उदकास्त्रोत, मनीसबळ उदरगत मंडळ, शिक्षणखाते,ग्रीमीणवास यंत्रणा,तशेचं हेर खात्यात वनेमलेल्लया ९५० जणांक नियुक्ती पत्रा दिवपाची कार्यावळ जाली.गोंयांत प्रत्येकाक नोकरी मेळची, तशेच जाका नोकरीची इत्सा ना, तांका स्वतचो वेवसाय उबो करपाक मेळचो हे हेतान राज्य सरकार अशा व्यक्तींक सदाच मजत करता. गोंयांत बरो वर्क कल्चर तयार जावचो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार म्हणला. युवा शक्ती सशक्त करपाचो हावेस प्रदानमंत्री नरेंद्र मोद हांणी दवरला. हे फांटभुयेंर गोंयच्या तरणाट्यांक नोकरीची नियुक्ती पत्र वाटताना खोस भोगता अशे तांणी म्हणला. गोंयात सुमार ६० हजार सरकारी शिरवीस करपी कर्मचारी

आसात. ह्य कर्मचार्यांनी आपापले काम प्रामाणिकपणान केले जाल्यार गोंयच्या जनतेक बरी प्रशासकीय सेवा दिवप सोपे जातले. हे खातीर समाजाच्या उदरगतीखातीर काम करपाची तळमळ कर्मचाऱ्यामदी आसप गरजेचे आसा अशे ह्यावेळार उदकास्त्रोत कात्याच मंत्र सुभाश शिरोडकार हांणी म्हणला.हया वेलार राज्यसभएचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, आमदार जीत आरोलकार, दोतोर चंद्रकांत शेट्ये, रुदाल्फ फर्नाडीस, प्रमेंद्र शेट, मंत्री सुभाश फळदेसाय, पणजी म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात, म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालक दिपक बांदेकार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

**कोंकणी भाशा मंडळाचे पुरस्कार जाहीर**

मडगांव: कोंकणी भाशा मंडळाचे 2025 वर्साचे वर्सुकी पुरस्कार जाहीर केल्यात, ह्या वर्साचो मानाचो कोंकणी सेवा पुरस्कार शिवनाथ नागेशकार आनी उल्हास पै भाटीकार हांकां फावो जाला. कोंकणी भाशा मंडळाचे अध्यक्ष रत्नमाला दिवकार हांणी आयज मडगावा घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत ही म्हायती दिली. भाशा मंडळाच्या 63व्या वर्धापन दिसा निमतान राजीव कला मंदिर, फोंडा हांगा जावपी खाशेल्या कार्यावळींत ह्या पुरस्कारांचे वांटप जातले. हेर पुरस्कार अशे: कोंकणी शिक्षक पुरस्कार - एच मनोज आनी डॉ प्रकाश पर्येकार, स्तंभकार पुरस्कार - सखाराम बोरकार, पत्रकारिता पुरस्कार - डॅनियल डिसोझा, कार्यकर्तो पुरस्कार - प्रसाद पांगम आनी फ्रांसिस फर्नांडीस, युवा साहित्य पुरस्कार - ग्लिनिस डायस, युवा उद्देजक पुरस्कार - व्हॅनिस आल्मेदा जाल्यार आर्मांड फर्नांडिस, उदय देशप्रभू आनी शैलेंद्र मेहता हांका साहित्य पुरस्कार जाहीर जाल्यात. **बाबली नायक**

मडगाव: कोंकणी चळवळीतले म्हालगडे कार्यकर्ते आनी पत्रकार बाबली नायक हे काल राती संवसाराक अंतरले. तांची पिराय ७५ वर्सां आसली. आयज मडगावच्या मठग्रामस्थ हिंदूसभेच्या मसंडभूंयेत तांचे कुडीचेर निमणे संस्कार जाले. तांच्या फाटल्यान किरण, दिलीप, काशीनाथ, अनंत आनी महेश असे पाच भाव आनी हेर कुटुंबीय आसात.

नायक हांणी आपलें पुराय जिवीत कोंकणी भाशेचे सेवेक ओंपिल्लें. कोंकणीक राजभाशेचो दर्जो मेळचो हे खातीर जे राजभाशा आंदोलन जाले. त्या आंदोलनात ते सक्रीय वांटेकार आशिल्ले. १९७५ वर्सां आणिबाणीच्या विरोधात जाल्ल्या आंदोलनात वांटेकार जाल्ल्यान तांकां बंदखणय भोगची पडिल्ली.

नायक हांणी आपले पुराय जिवीत कोंकणी भाशेच्या सेवेक ओंपले. कोंकणी भाशा मंडळाकडेन तांचो लागींचाे संबंद आशिल्लाे. काेंकणीत सुनापरान्त हे दिसाळे सुरु जाल्या उपरांत ते सुरवेक सावन ह्या दिसाळ्याकडेन कार्यरत आशिल्ले. ह्याच दिसाळ्याचे वावुरपी संपादक म्हुण ते निवृत्त जाल्ले. तांच्या मरणाचेर जायत्या जाणांनी दु:ख उक्तायले.

रामा काणकोण

समाज वावुरपी रामा काणकोण हांचेर काल दनपरा जाल्लया हल्याचो निशेध करीत आयज काँग्रेस, आप, गोवा फॉरवर्ड पार्टी, RGP, समाज वावुरपी तशेंच गाकुवेद, आनी रामा काणकोणकाराच्य समर्थकांनी पणजे आझाद मैदानाचेंर एकठाय येवन गोंयातं कायदो आनी वेवस्थ पुराय तर्हेन बाबात जाल्याचे आरोप करीत निशेध केलो. रामा काणकोणकराचेंर हल्लो करपी गुन्ह्यावकारांक काडक कायदेशीर कारवाय करुन रामा काणकोणकार हांका सराकरान न्याय दिवचो अशी मागणी ह्यावेळरा आंदोलकारानी लावंन धरल्ली. आझाड मैदानाउपरांत थेट आल्तिन्हो मुखेलमंत्र्याच्या बंगल्याचेंर ह्या गटान मोर्चा वरपाचो यत्ज्ञ केलो

आयतारा सांज मेरेन रामा काणकोणकार हांचेर हल्लो करपी मास्टर माइंड उक्तो करून अटक करात नाजाल्यार परतून आंदोलन वेगवेगळया रुपांनी चालू उरतले अशी शिटकावणी ह्यावेळार विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, गोवा फोवर्ड पक्षाचे आमदार विजय सरदेसाय, रेव्हुलेशनरी गोवन्स आमदार विरेश बोरकार, आम आदनमी पक्षाचे आमदार वेन्झी विएगश. दक्षीण गोंयचे खासदार कॅप्टन विरीयेतो फर्नाडीस , तशेचं हाजीर आशिल्लया समाज वावुरप्यांनी दिल्या.जाल्यार ह्यावेळार चडशे समाजीक वावुरपी आशिल्ल्या निदर्शकांचें शिश्टमंडळान मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांकां मेळून आपल्यो मागणी मांडल्यो.

Play bytes of all opposition leaders

इतलेमगती मुखेलमंत्री तशेंच दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्या प्रकरणाची नोंद घेयत जे हल्लो करपी आसा तांका कलम 307 लावपाचो, एनएसए कायदो लावपाचो आनी तडीपार करपाच्या शिष्टमंडळाचे मागणेचेर विचार करतले. गँगवॉर गोंयातल्यान काबार करपा खातीर आमी पोलिसांक पुराय मेकळीक दिल्या. पोलिस फोन ट्रॅक करपाचे मार्गार आसात आनी मास्टर मायंड बेगीनूच सापडटलो अशे म्हणला.मुखेलमंत्री सावंत हांमी गोय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या हॉस्पिटलात वचुन रामा काणकोण कर हांची भेट घेंवन तांच्य भलायेकची

लेगीत  चवकशी केली. रामा काणकोणकाराक  पुराय सुरक्षितताय दितले अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

Play byte of cm

काल दनपारां करंजाळे हांगा समाज वावुरपी कार्यकर्तो रामा काणकोणकाराचेर 6 जाणांच्या पंगडान क्रूरपणान मारपेट करून दिसाच्या उजवाडांत रस्त्यार उडयलो. गोंयांतल्यान पळून वचपाचो यत्न करतना, 6 आरोपीं मदल्या 5 जाणांक पुलिसांनी धरल्यात. हे विंशी पुलिस फुडलो तपास करतात